२३.०९.२०२५ @ 8.40am

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग, राष्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो

- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज गांधीनगरांतल्या महात्मा मंदिरांत स्टार्टअप कॉन्क्लेव्ह 2025 चें उक्तावण करतले.
- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज नवी दिल्लींत 2023 वर्साचे 71वे राष्ट्रीय चित्रपट पुरस्कार भेटयतल्यो.
- आयुष मंत्रालय, अखिल भारतीय आयुर्वेद संस्था, गोवाच्या सहकार्यान, आज १० वो राष्ट्रीय आयुर्वेद दिस मनयतले
- ओदिशा, छत्तीसगढ, दर्यादेगेवेलो आंध्र प्रदेश, अस्तंत बंगाल, झारखंड, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा आनी उत्तर उदेंतेतल्या राज्यांत दीसभर मध्यम ते उटंगाराचो पावस पडपाची शक्यताय भारतीय हवामान खात्यान उक्तायल्या.
- सध्याचे फिडे बायलां बुध्दिबळ विश्वचषक विजेती ग्रॅण्डमास्टर दिव्या देशमुखाक 31 ऑक्टोबराक गोंयांत सुरू जावपी फिडे विश्वचषक 2025 खातीर वाइल्ड कार्ड एंट्री मेळ्ळा.

- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज गांधीनगरांतल्या महात्मा मंदिरांत स्टार्टअप कॉन्क्लेव्ह 2025 चें उक्तावण करतले. उक्तावण सुवाळ्याक गुजराताचे मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल आनी राज्य उच्च आनी तंत्रीक शिक्षण मंत्री रुशिकेश पटेल हाजीर आसतले. राज्य शिक्षण खात्यान आयोजीत केल्ल्या दोन दिसांच्या कार्यावळींत 1 हजारां परस चड स्टार्टअप, 5 हजार नवनिर्माण करपी, 100 उद्देग मार्गदर्शक, 50 प्लस वेंचर फंड, आनी मुखेल धोरण निर्माते एकाच माचयेर आसतले. तशेंच स्टार्टअप इंडिया, इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्रालयान वेंचून काडिल्ले 20 राज्यांतले 170आवयर स्टार्टअप आनी संरक्षण उत्कृश्टताये खातीर नवकल्पना ह्या परिशदेंत दाखयतले.
- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज नवी दिल्लींत 2023 वर्साचे 71वे राष्ट्रीय चित्रपट

पुरस्कार दितल्यो. ह्या निमतान अभिनेतो, दिग्दर्शक, आनी निर्मातो मोहनलाल हांकां सिनेमा मळार सगळ्यांत उंचेली मान्यताय मेळिल्लो दादासाहेब फाळके पुरस्कार दिवन भोवमानित करतले. फिल्म निर्मिती, कथा आनी अभिनयांतल्या उत्कृश्टतायेचो गौरव करपा खातीर 2023 वर्साचे 71वे राष्ट्रीय चित्रपट पुरस्कार वेगवेगळ्या विभागांनी दितले. सर्वोत्कृष्ट खासा चित्रपट पुरस्कार '12 वी फेल' ह्या हिंदी सिनेमाक दितले, जाल्यार सर्वोत्कृष्ट हिंदी वैशिष्ट्यपूर्ण फिल्म पुरस्कार 'कटहल: अ जॅकफ्रूट मिस्टरी' ह्या सिनेमाक दितले.

- इकरा वरसा फाटी सत्ता हातात घेतले सावन देशा खातीर सेवा आणि सुसाशना वरवि परिवर्तन हे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हांचे सपन अशील्ले. ह्याच दिकेन मारील्ले पावल आणि ताचे विशी हो असा आमच्या खबरा विभागान सादर केलो खासा रिपोर्ट: बाय्ट
- आयुष मंत्रालय, अखिल भारतीय आयुर्वेद संस्था, गोवाच्या सहकार्यान, आज १० वो राष्ट्रीय आयुर्वेद दिस मनयतले . या कार्यक्रमाचे उक्तावण केंद्रीय आयुर्वेद राज्यमंत्री प्रतापराव जाधव हांच्या हस्तुकी जातले तर केंद्रीय मंत्री श्रीपाद येसो नाईक हेय या कार्यक्रमाक उपस्थित रावतले. या वर्साचो मथाळो "लोकां खातीर आयुर्वेद, गिऱ्या खातीर आयुर्वेद". या उत्सवात राष्ट्रीय धन्वंतरी आयुर्वेद पुरस्कारांचे सादरीकरण, **AIIA** गोवा हांगा नवीन रुग्णालय सुविधांचे उक्तावण आणि थळाव्या रान भाज्यांचे प्रदर्शन करपी, रान-भाजी उत्सव हाचो आसपाव आसा. देश का स्वास्थ्य परीक्षा* ही देशव्यापी मोहीम, द्रव्य डिजिटल पोर्टल आणि समर्पित आयुर्वेद अचिव्हर्स वेबसाइट यासयत खुपशे नवीन उपक्रम सुरू करतले. प्रकाशन आणि संशोधन प्रोटोकॉलची मालिकाय प्रकाशित करतले. आधुनिक भलायकी सेवा आणि शाश्वतते मदी आयुर्वेदाची भूमिका मुखार व्हरपाक  शैक्षणिक, संशोधन आणि उद्योग भागीदारा वांगडा समजीकायेच्या कबलातीर सय करून आंतरराष्ट्रीय आणि राष्ट्रीय सहकार्य घटमूट करतले
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ऑक्टोबर 2022 वर्सा सुरू केल्लो रोजगार मेळा देशभरांत रोजगार निर्मिती वाडोवपाचे दिकेन एक मुखेल पावल आसा. ताचे विशी हो असा आमच्या खबरा विभागान सादर केलो हो खासा रिपोर्ट byte

- नेक्स्ट जनरेशन जीएसटी सुधारणा हे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या गरीब, तरणाटे, शेतकार आणि बायलांप्रती सेवेच्या दृढ संकल्पाचे प्रतीक आसा. जीएसटी कपात जाल्यान जावपी फायद्या विशी केंद्रीय मंत्री किरेन रिजीजु उलयताले.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज ओडिशातल्या कांय सुवातानी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. छत्तीसगढ, दर्यादेगेवेलो आंध्र प्रदेश, अस्तंत बंगाल, झारखंड, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा आनी उत्तर उदेंतेतल्या राज्यांचेरूय दीसभर मध्यम ते उटंगाराचो पावस पडपाची शक्यताय आसा.
- सध्याचे फिडे बायलां बुध्दिबळ विश्वचषक विजेती ग्रॅण्डमास्टर दिव्या देशमुखाक 31 ऑक्टोबराक गोंयांत सुरू जावपी फिडे विश्वचषक 2025 खातीर वाइल्ड कार्ड एंट्री मेळ्ळा. 31 ऑक्टोबराक गोंयांत ही सर्त सुरू जातली.
- ही आसा एक कळोवणी - आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोंकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे समपर्क साधचो.